## राज्यपालाच्या वतीन नातळाची परबी

पण

जीः23 डिसेंबर 2023

राज्यपाल श्री.  पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हाणीं नाताळाच्या निमतान गोंयच्या लोकांक खास करून क्रिस्तांव भाव-भयणांक मनांकाळजांतल्यान परबीं भेटयल्या.

राज्यपालान आपल्या संदेशांत म्हळा हो दीस जेजू क्रिश्ताचो जल्माचो दीस म्हूण मनयतात. हो सण त्याग, मोग, एकचार, दया आनी शांती ह्या आदर्शाचें पालन करपाचो संदेश आमकां दिता. हो पवित्र सण मनयतना आमी सगळ्यांक मजतीचो हात दिवन जेजू क्रिश्ताच्या मोग करपाच्या आनी माफ करपाच्या शाश्वत संदेशाचें अनुकरण करुंया".

राज्यपालान फुडें म्हणलें की, भारतांत सगळे सण व्हडा उमेदीन, भावपणान आनी खुशालकायेन मनोवपाची परंपरा आसा. ही परंपरा घट करपाचो नाताळ हो एक पवित्र सण आसून तो शांतीचो आनी भक्तीचो काळ आसता. नाताळ हो सद्भावनेचो वेळ आसता कारण तो देवाचो मनश्या कडेन समेट करपाचो संकेत दिता".

ह्या निमतान हांव लोकांच्या सुखा खातीर आनी राज्याच्या उदरगती खातीर देवा कडेन प्रार्थना करता. आमी सगळे एकठांय येवन आमच्या मायभुंयेच्या प्रगती खातीर यत्न करुया आनी उर्बेन राज्याच्या समृद्धी खातीर वावुरया अशें निमाणें राज्यपालान आपल्या संदेशांत म्हळा.

--

-------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.